आकाशवाणी पणजी

22.02.2025 @ 7.20 pm

मुखेल खबरो

गोंयचे आठवे विधानसभेचें णववें अधिवेशन 24 मार्चा सावन सुरू जातलें.

आदले केंद्रीय शिक्षणमंत्री मौलाना अबुल कलम आझाद हांची आयज 62 पुण्यतीथ

राष्ट्रीय अविष्कार सप्तक कार्यावळींच्या दुसऱ्या पांवड्यार 'उदक संवर्धन ' विशयाचेर जागृताय कार्यावळ जातली

फाल्यां सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीचेर जावपी ‘मन की बात’ कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भारतांतल्या आनी परदेशांतल्या लोकां कडे आपले विचार मांडतले.

-------------

Ganesh 80

गोंयचे आठवे विधानसभेचें णववें अधिवेशन 24 मार्चा सावन सुरू जातलें. राज्यपाल श्रीधरन पिल्ले हांणी हे संबंदीची अधिसुचोवणी जारी केल्या. विधानसभेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन 24, 25 आनी 26 मार्च अशें तीन दीस चलतले. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत अधिवेशनात 2025- 2026 वर्साचो अर्थसंकल्प सादर करतले. केंद्रीय अर्थसंकल्प सादर जाले उपरांत फेब्रुवारींत राज्याचो अर्थसंकल्प सादर करतात. पूण, अर्थसंकल्पाची तयारी आनी खात्याचे बसकेक लागून फेब्रुवारींच्या अधिवेशनांत अर्थसंकल्प सादर जावंक शकलो ना. राज्यांत कर वसुली वाडिल्ल्यान फाटल्या

वर्साच्या तुळेंत अंदूच्या अर्थसंकल्पांत खात्या खातीर व्हड तजवीज आसतली.

Rashmi 85

आदले केंद्रीय शिक्षणमंत्री मौलाना अबुल कलम आझाद हांची आयज 62 पुण्यतीथ. हे फांटभुयेर गोय प्रदेश कोग्रेस समीती आनी कोग्रेसीच्या सेवा दळ फाट्यान तांका आर्गा ओपली.मौलाना अबुल कलम आझाद हांणी देशाच्या स्वतंत्र्य चळवळीत महत्वाचे योगदान दीला.ते एक नामनेचे लेखक, कवी आनी पत्रकार आशील्ले अशे काॅग्रेसीचे उपाध्यक्ष एम.के शेख हांणी म्हणला.शिक्षण मळार तांणी केल्ले काम आयजुय देख दीवपी आसा अशे मत ह्यावेळार शेख हांणी व्यक्त केले.ह्यावेळार बायला काग्रेसीची अध्यक्ष प्रतीक्षा खलप तशेंच सेवा दलाचे फुडारी राजन घाटे तशेंच काग्रेस पक्षाचे वांगडी हाजीर आशील्ले. ही कार्यावळ पणजे काग्रेस हावसात जाली.

Subhash 75

राष्ट्रीय अविष्कार सप्तक कार्यावळींच्या दुसऱ्या पांवड्यार 'उदक संवर्धन ' विशयाचेर जावपी जागृताय कार्यावळींनी माध्यमिक शाळांनी वांटेकार जावंचे अशें आवाहन राज्य शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेच्यो संचालक सरिता गाडगीळ हांणी केलां. ह्या कार्यावळीच्या पयल्या पांवड्यार संबंध देशभर ' वृक्षारोपण ' कार्यावळीक चालना दिल्ली. उदकाचे संवर्धन , ताचो योग्य वापर , पावसाच्या उदकाची साठवण अश्या साबार विषयांचेर विद्यार्थ्या खातीर कार्यावळी आंखच्यो आनी ३१ मार्च २०२५

मेरेन ताचो अहवाल गुगल लिंक वरवी अपलोड करचो अशें एस. सी आर. टीन सांगलां.

Sushant 75

मडगावच्या रवीन्द्र भवनात फाटले पाच दिस चालू आशिल्ल्या बुल बुल आंतरराष्ट्रीय बाल चित्रपट महोत्सवाचो काल  समारोप जालो समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हे ह्यावेळार मुखेल सोयरे म्हूण जाल्यार मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हे खास सोयरे म्हूण ह्या सुवाळ्याक आशिल्ले. गाये सरकारच्या म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याच्या पालवान घडोवन हाडिल्लो हो महोत्सव पाच दिस चल्लो  संवसारांतल्या वेगवेगळ्या देशांतले सुमार ८० चित्रपट आनी लघुपटांचे तातूंत प्रदर्शन जाले. हो महोत्सव पळोवपाक गोंयच्या वेगवेगळ्या शाळांतल्यान विद्यार्थी आयिल्ले. तांचे खातीर वेगवेगळ्या सर्ती घडोवन हाडिल्ल्यो.

Rashmi / Thali 200

आपलो इतिहास आपणे केनाच विसरुंक जायना, तशेंच  प्रत्येक काळात लेखन जावपाक जाय, तशें केल्यारुच  ताचे दस्तएवज स्वरुपात बरोवप फुडल्या पिळगेक  त्या त्या वेळावेल्यो घडणुको, इतिहास समजुन घेवपाक  मजत करतली अशें मत  नामनेचे ज्येष्ठ कोंकणी कथाकार दामोदर मावजो हांणी व्यक्त केला.गोंयाभायर जे गोंयकार नोकरी वा वेवसाया निमतान गेले तांणी दुसऱ्या राज्यात  राबीतो करतना थंयच्य जडण घडणीत योगदान दिले, आपणे कोकणीपण , गोंयकारपण तिगोवन ते रावले, परत गोंयांक आयले, आनी तांका अणभवाक  आयिल्ले खीण तांणी लेखन केले अशें साहित्य आकादमी आनी

उच्च शिक्षण संचालनालय तशेच  विद्या प्रबोधिनी शिक्षण संस्थेच्या जोडपालवान आयोजित  कोकणी साहित्यात  देश - परदेश ह्या परीसंवादाच्या उक्तावण सुवाळ्यात  प्रमुख वक्ते म्हण उलयत। मावजो हांणी म्हणला. पयल्या सत्रांत शैलेन्द्र मेहता हाणी आपल्या पेपरांत आखाती देशांतले जिणेचो साहित्यांत कितलो आसपाव जाला आनी तो कसो जाला ताचेर उजवाड घालो. प्रा सुशांत नायक हांणी पोर्तुगाल, युके, ब्राझील हांगासल्ल्या देशांतले समाजजीणेचो साहित्यांत कसो आसपाव जाला ताची माहिती दिली. आखात आनी हेर देशांनी रावपी गोंयकारांच्यो व्यथा, दुख्खां, दगदग हे साहित्यांतल्यान आनी खास करून नाटकांतल्यान व्यक्त जावपाक वाव आसा अशें अध्यक्षपदावेल्यान उलैतना मुकेश थळी हांणी सांगलें. ह्या राष्ट्रीय परिसंवादाच्या उक्तावण सुवाळ्ळ्याक मुखेल सोयरे म्हणून गोंय शिक्षण संचालनालयाचे संचालक भूषण सावयकार हाजीर आसतले. तशेंच माचयेर केंद्रीय साहित्य अकादेमीचे कोंकणी सल्लागार मंडळाचे निमंत्रक मेल्विन रोड्रीग्स, साहित्य अकादेमी मुंबय प्रादेशीक कार्यालयाचे प्रभारी अधिकारी डॉ. ओम प्रकाश नागर, हाजीर आसले

Mankibaat 65

फाल्यां सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीचेर जावपी ‘मन की बात’ कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भारतांतल्या आनी परदेशांतल्या लोकां कडे आपले विचार मांडतले. म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 119वो भाग आसतलो. हो कार्यक्रम पुराय आकाशवाणी आनी दूरदर्शन नेटवर्कार,आकाशवाणी न्यूज संकेतथळार आनी न्यूजऑनएअर मोबायल ॲपाचेर प्रसारीत जातलो. तशेंच आकाशवाणी  न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण

मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचें थेट प्रक्षेपण  जातलें. हिंदी प्रसारणा उपरांत आकाशवाणी रोखडोच प्रादेशिक भाशांनी हो कार्यक्रम प्रसारीत करतले.

Subhash 120

६ हजार वर्सां आदलो 'रामायण ' ग्रंथ आयज लेगीत तितलोच नवोदिसता तांतूतली साहित्य मूल्यां नव्या लेखकांनी अभ्यासची अशें गोवा मराठी अकादमीचे अध्यक्ष प्रा. अनिल सामंत हांणी सांगले. तें आयज फोंडा वाचक सल्लागार समितीन घडोवन हाडिल्या डॉ. राम मनोहर लोहिया स्मृती व्याख्यानमाळेच्या पयल्या व्याख्यानांत 'रामायण महाकाव्यातील साहित्यमूल्य आणि जीवनमूल्य ' ह्या विशयाचेर उलयताले. वाचक सल्लागार समितीच्यो अध्यक्ष डॉ. विद्या प्रभुदेसाई हांणी ह्या कार्यावळीचे प्राप्ताविक केले. फोंडा विश्व हिंदू परिषद सभाघरात सुरू आशिल्ल्या ह्या ३ दिसांच्या व्याख्यानमाळेचे हें १९ वे वर्स. फाल्या आयतारा २३ तारखेक 'समाजभान येताना ' ह्या विशयाचेर डॉ. दत्ताराम भास्कर देसाई हांचे उलोवप जातले. सोमारा २४ फेब्रुवारी दिसा 'म्हजें व्यसन-वाचन आनी लेख' ह्या विशयाचेर माया खरंगटे हांचे उलोवप जातले

Rajashri 160

देश - विदेशांतल्यान गोंयांत येवपी पर्यटकांक सदांच' अतिथी देवो भवः' ह्या तत्वानूच येवकार दितात. गोंयांत येवपी पर्यटकांनी कितें खांवचें आनी कितें खांवचें न्हय, कसले कपडे न्हेसचे, हे बाबतींत सरकार केन्नाच कसलेच निबंध घालचें ना, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी शुक्रारा

स्पश्ट केलें.  मुंबय आयोजीत 'इंडिया समीट' हातूंत घेतिल्ले मुलाखतींत ते उलयताले. हेर राज्यांनी पर्यटकांच्या खांवपा - पियेवपा संबंदांत तशेंच कपड्यां विशीं कितें निर्णय घेवचो, हो तांचो अधिकार आसा, पूण गोंय संवसारीक दर्जाचें पर्यटन थळ आशिल्ल्यान दर वर्सा लाखांनी पर्यटक गोंयाक भेट दितात. 'अतिथी देवो भवः' ह्या तत्वानूच आमी तांकां येवकार दितात. देश - विदेशांतले सगळेच तरेचे पर्यटक गोंयांत येतात. ताका लागून तांणी गोंयांत आयले उपरांत तांच्या खांवपा - पियेवपाचेर वा कपड्यांचेर आमी कसलेच तरेचे निर्बंध घालपाक शकनात, अशें मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी सांगलें. फाटल्या कांय दिसांनी पर्यटका बाबतींत चुकीच्यो घडणुको घडल्यो. पूण पर्यटकांचे सुरक्षे खातीर गोंय पुलीस सतर्क आसात. गोंया इतलें सुरक्षीत राज्य सध्या देशांत ना, पूण पर्यटकांनी लेगीत गोंयांत येवन बेकायदेशीर कामांत वांटो घेवचो न्हय, असोय उलो तांणी मारलो.

Rajashri 160

कर्मचारी भरती आयोगान  कांय दिसां आदीं 232 एलडीसी पदां खातीर घेतिल्ले पयले कॉम्प्युटरबेस (सीबीटी) परिक्षेच्या निमाण्या निकाला आदीं 464 उमेदवारांक कुशळटाय परिक्षेक फुडो करचो पडटलो. तातूंतल्यान निमाण्या 232 उमेदवारांची निवड करतले. आयोगान  232 एलडीसी पदां खातीर घेतिल्ले पयले सीबीटी परिक्षेचो अंतीम निकाल फाटल्या शुक्रारा जाहीर केल्लो. हे परिक्षेत 14,628  उमेदवार पास जाल्ले. तातूंतल्या 1,160 जाणांनी सीबीटी खातीर निवड करतले. ते खातीर उमेदवारांच्या कागदपत्रांची छाननी प्रक्रिया सुरू केल्या. सीबीटी - 3 त ह्या 1,160

मदल्यान 464 उमेदवारांची निवड जातली. ते उपरांतूच 232 सुवातां खातीर पात्र उमेदवार निश्चीत करतले-

कर्मचारी भरती आयोगान वट्ट पांच पांवड्याचेर एलडीसीच्या 232 पदां खातीर परिक्षा घेतिल्ली. ह्या 232 पदां खातीर सुमार 22 हजार उमेदवारांनी अर्ज भरिल्ले. तातूंतल्या 14,628 उमेदवार पास जाल्ले. टू टायप सीबीटींत, सीबीटी - 2 आनी सीबीटी ३ अश्यो परिक्षा जातात. तातूंतल्या सीबीटी - 2 चो अंतीम निकाल जाहीर जावन पास जाल्ल्यां मदल्यान रित्या सुवातांच्या पांच पटींनी म्हणल्यारूच 1,160 जाणांची सीबीटी - 3 खातीर निवड करपाचें काम सध्या आयोगा कडल्यान चालू आसा. उमेदवारांच्या कागदपत्रांची छाननी जाले उपरांत सीबीटी - ३ चे वेळापत्रक जाहीर करतले,

पुरस्कार 85

भौशीक प्रशासनांतल्या उत्कृश्टताये खातीर 2024 वर्साच्या प्रधानमंत्री पुरस्कारा खातीर 1500 वयर नामांकनां मेळ्ळीं. तीन श्रेणींतल्या नागरी सेवकांच्या योगदानाची दखल घेवप हो ह्या पुरस्कारांचो हेत आसा. जिल्ह्यांची समग्र उदरगत, आकांक्षी गट कार्यावळी, आनी नवनिर्माण ह्या श्रेणींत हे पुरस्कार दितले. जिल्ह्यांची समग्र उदरगत आनी आकांक्षी गट कार्यावळी ह्याश्रेणींत वट्ट पांच पुरस्कार दितले. ते भायर नवनिर्माण विभागांत स पुरस्कार दितले. ह्या पुरस्कारांत वांटो घेवपा खातीर 710 जिल्ह्यांनी नोंदणी केल्या अशें कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी निवृत्ती वेतन मंत्रालयान सांगलां.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी 21 एप्रीलाक नवी दिल्लींत नागरी सेवा दिसा निमतान हो पुरस्कार दितले.

----------